Panaji Regional 26th January 2026 7.25am

Republic day –

देशाच्या हेर वाठारांप्रमाण आज गोंय राज्यांतय 26 जानेवारी 2026 दिसा प्रजासत्ताक दीस मनयतले. राज्य पांवड्यावयलो प्रजासत्ताक दीस सुवाळो सकाळी 8.15 वरांचेर ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर जातलो. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दितले आनी उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले.

सुवाळ्याच्या थळार राज्यपालांक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस म्हासंचालक, गोंय विभागाचे ध्वजाधिकारी येवकार दितले.

DIP –

आज 26 जानेवारीक दनपारां 11.30 वरांचेर सत्तरीतल्या नाणूस किल्ल्याचेर गृह खात्यावतीन आयोजीत कार्यावळींत राणे बंडाच्या उगडासाक आर्गां ओपतले. पर्येच्यो आमदार डॉ. देविया राणे ह्यो राणे बंडाच्या स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपतल्यो. तशेंच हेर मानेस्त स्मारकाचेर पुष्पांजली ओपतले.

Ganesh –

सरकार घुवळे वखदां विशीं कसलेच तरेची तडजोड करिना आनी घुवळे वखदां आड जागृताय आनी कारवाय सुरूच रावतली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. नशा मुक्ती आनी सुरक्षीत गोंयां खातीर सगल्यांनी येत्न करचें, अशें तांणी म्हणले. राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणा वतीन आयोजीत घुवळे वखदां विरोधी जागृताय मोहिमेच्या समारोप सुवाळ्यांत ते उलयताले. Byte

घुवळे वखदांची समस्या ही फकत गुन्यांवकारी स्वरूपाची न्हय. ती समाजीक, मानसीक आनी भलायकेची समस्या आशा अशें सरन्यायाधीश न्या. सूर्यकांत हांणी म्हणले. आयतारा कला अकादमीत जाल्ले कार्यावळीत न्यायाधीश जे के महेश्वरी, न्या. मनमोहन, न्या. चंद्रशेखर, न्या. सुमन श्याम, न्या. वाल्मिकी मेनेझिज आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

Rashmi - 90

लोक भलायकी विंशी आता सादुर जाल्यात. ह्या काळात आर्युवेदा उपचार पध्दत महत्वाची थारतली अशे मत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हंणी उक्तायल्या.

कुड, मन, आहार, आनी जीवनशैली घटमुट दवरपाक आर्युवेद महत्वाची थारतले. संसारात आर्युवेदा चिकीत्सेचो वेगान प्रसार जायत आसा. आर्युवेदाचे कसलेच वायट परीणाम जायना हो ह्या उपचार पद्दतीचो महत्वाचो भाग . आर्युवेदाच्या दोतोरांक परजळीत फुडार आसा, तशेच आर्येवदाच्या माध्यमातल्यान एक सशक्त आनी घटमुट पिढी साकारुंक शकता.  अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ndia International e ayurveda expo and summit चो   समारोप kal श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमचेरं जाले.

Jan –

कला अकादमी वाठारात भरील्ल्या लोकोत्सवातल्या दुकानाक उज्याची घडणूक जावन लुकसाण जावंचे न्हय म्हूण उजो पालोवपी दळान फावो ती वेवस्था केल्या अशी म्हायती ह्या दळाच्या वडील अधिकाऱ्यांनी दिल्या. उजो पालोवपी दळाचे १५ जवान तशेंच दोन गाडयो हांगा कायम स्वरूपी तैनात केल्यात अशें उत्तर गोंय उजो पालोवपी दळाच्या अधिकाऱ्यांनी सांगले. उज्याची घडणूक घडची न्हय म्हूण अंदू दुकानांचो आंकडो उणो केला. दुकाना उबारतना वापरतात ते सामान उजो लागता अशें आसू नये अशें सगळ्या दुकानदारांक सांगला अशीय म्हायती उजो पालोवपी दळान दिली. लोकोत्सवात फिरून मदींच सगळे सारके आसा काय ना ? वा सगळ्या दुकानदारानी फावो ती जतनाय घेतल्या काय ना तें तपासतले अशेंच ह्या अधिकाऱ्यांनी सांगले.

Weather –

गोय वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 33-34 डिग्रीस celcius जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 19-20 डिग्रीस celcius आसपाची शक्यताय आसा.

Sports –

रणजी करंडक एलीट 'ब' गट मॅचींत गोंयाक महाराष्ट्रा आड 8 विकेटींनी हार खावची पडली. ही मॅच पुण्याच्य गहुंजेंतल्या एमसीए क्रिकेट स्टेडियमाचेर जाली.

गोंयांत पयल्या डावांत 209 धांवड्यो काडिल्ल्यो. उपरांत महाराष्ट्रान 350 धांवड्यो काडीत 141 धांवड्यांची आघाडी घेतली. गोंयांन दुस्या डावांत शेनवारा सांजें मेरैन 6 बाद 210 धांवड्यो काडिल्ल्यो. आयतारा तांचो डाव 248 धांवड्यांचेर सोंपलो.